**‘प्रशासनांत कोंकणी भाशेचो वापर” ह्या विशयाचेर एका दिसाच्या कार्यशाळेचे आयोजन**

ता. 12 नोव्हेंबर 2024

राजभाशा संचालनालय आनी युवा पणजी हांच्या जोड पालवान शुक्रार ता. 29 नोव्हेंबर 2024 दिसा सकाळीं 9:30 ते सांजे 5:00 मेरेन मल्टीपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो, पणजी हांगा ‘प्रशासनांत कोंकणी भाशेचो वापर” ह्या विशयाचेर एका दिसाची कार्यशाळा आयोजीत केल्या.

ही कार्यशाळा सरकारी कर्मचारी, शिक्षक, विद्यार्थी आनी नागरिका खातीर आसा. सरकारी आनी प्रशासकी कामकाजांत आपली मायभास कोंकणी वापरपाचें म्हत्व पटोवन दिवप. तशेंच राजभाशा अधिनेमा विशीं माहिती आनी कोंकणी भाशेचो वापर केल्यार पत्रवेव्हार प्रभावी कसो जावं येता हाचें म्हत्व पटोवपचेर भर दितले.

ही कार्यशाळा प्रशासकीय कर्मचाऱ्यां खातीर चड उपेगी थारतली. संवादात्मक सत्रां वरवीं कोंकणी वापरल्यार प्रशासकी प्रक्रिया कशी सुगम करूं येता, संवाद सुदारूं येता, आनी गोंयकार समाजा कडेन घट संबंद कसो वाडोवंक मेळटा हाची जाणविकाय वांटेकारांक मेळटली.

कार्यावळीचो तपशील:

अदीक माहिती खातीर वा नोंदणी करपा खातीर सनथ भरणे हांका 9881887563 ह्या नंबराचेर संपर्क सादचो. तशेंच https://forms.gle/yBxaHNyQUwXT4Vfq9 चेर ऑनलायन नोंदणी करपाक जाता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/631

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.